गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 01 वर्स 2026**

**09.01. 2026 दिसा प्रकाशीत केल्या**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 23. 01. 2026 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.in वा गोंय सरकाराचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:**1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

ए) ऑनलायन

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) ऑफलायन

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकयनासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटलो. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाची वॅबसायट नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

टीप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत कसल्योय विसंगती दिसल्यार इंग्लीश आवृत्ती हीच प्रामाणीत अशें मानतलें.

## I. तंत्रीक शिक्षण संचालनालय

गोंय फार्मसी महाविद्यालय (GOA COLLEGE OF PHARMACY)

फार्माकोलॉजींत सहयोगी प्राध्यापक (Associate Professor in Pharmacology)

…. 1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 13 A1 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक** – i) मान्यताय प्राप्त विद्यापीठ /संस्थेंतल्यान संबंदीत क्षेत्रांत पीएच.डी पदवी आनी संबंदीत फांट्यांत पयले श्रेणींत वा तत्सम वा एक तर पदवीधर वा पदव्युत्तर पदवी आसूंक जाय. ii) विज्ञान उल्लेख निर्देशांक (एससीआय) जोर्नाल/ विद्यापीठ अनुदान आयोग (युजीसी)/ ऑल इंडिया कावन्सील फॉर टॅक्निकल एज्युकेशन (एआयसीटीई) हांणी मान्य केल्ल्या जोर्नालांचे वळेरीची उण्यांत उणीं स संशोधन प्रकाशनां आसूंक जाय. (iii) शिकोवप/संशोधन/वेवसायांत आठ वर्सांचो अणभव, जातूंतलीं उण्यांत उणीं 2 वर्सां पीएच.डी उपरांतचो अणभव आसूंक जाय.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– मराठीचें गिन्यान.

## II. भौशीक भलायकी खातें

भलायकी सेवा संचालनालय (DIRECTORATE OF HEALTH SERVICE)

**सहाय्यक किटकशास्त्रज्ञ (Assistant Entomologist)** .....1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक** – i) मान्यताय प्राप्त विद्यापीठ /संस्थेंतल्यान किटकशास्त्रांत वा प्राणीशास्त्रांत पदव्युत्तर पदवी सयत किटकशास्त्र विशयांत खाशेलपणा वा तत्सम आसूंक जाय.

ii) वैजकी ऍनटोमॉलॉजींत सुमार 2 वर्सांचो संशोधनाचो अणभव आसूंक जाय (हेर तरेन पात्र आशिल्ल्या उमेदवारांचे बाबतींत आयोगाचे विवेकबुद्धी प्रमाणें पात्रताय शिथील करतले).

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– मराठीचें गिन्यान.

**<u>अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालय (DIRECTORATE OF FOOD AND DRUGS ADMINISTRATION)</u>**

कनिश्ठ विज्ञानीक अधिकारी (अन्न) [Junior Scientific Officer (Food)] ....... 1 पद (अनारक्षीत)

**वेतन श्रेणी:** वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक** – i) भारतांत कायद्यान स्थापन केल्ल्या विद्यापिठांतल्यान रसायनशास्त्र वा जैवीक रसायनशास्त्र वा अन्न तंत्रज्ञान वा सूक्ष्मजीवशास्त्र वा अन्न आनी वखदां ह्या विशयांत पदव्युत्तर पदवी वा रसायनशास्त्र संस्थेन (भारत) घेतिल्ल्या अन्न विश्लेशण विभागांत परिक्षा दिवन रसायनशास्त्रज्ञ संस्थेचो (भारत) सहयोगी आसप आनी सरकाराचे मान्यताय प्राप्त प्रयोगशाळेंतल्या वा गोंय सरकाराच्या अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाच्या संयुक्त अन्न प्रयोगशाळेंत अन्न विश्लेशणांत पदव्युत्तर पदवी घेतल्या उपरांत, उण्यांत उणो 3 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

(ii) केंद्र सरकारान अश्या उद्देशान नियुक्त केल्ल्या आनी अधिसुचोवणी दिल्ल्या मंडळान भौशीक विश्लेशक म्हूण नेमणूक करूंक पात्र आसा.

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– मराठीचें गिन्यान.